# गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पुरस्कारां खातीर मागयल्यात अर्ज

ता. 20 डिसेंबर 2024

गोवा कोंकणी अकादेमीन 2022, 2023 आनी 2024, ह्या तीन वर्सांचे पुरस्कार दिवपाचे थारायलां. ह्या तीन वर्सांच्या साहित्य – भाशा सेवा पुरस्कारां खातीर अर्ज तशेंच अकादेमी शिफारशी मागयतात. 'कोंकणी साहित्य पुरस्कार' आनी 'कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार' अशा दोन गटांत हे पुरस्कार दितले. पयल्या गटांत सर्वोत्कृश्ट साहित्य/ ग्रंथ हांचे खातीर वट्ट णव पुरस्कार आसात. कविता, कथा/कादंबरी, नाट्यलेखन, निबंद/प्रवासवर्णन, संशोधन/शास्त्रीय, समिक्षा, बालसाहित्य, अणकार आनी सर्वोत्कृश्ट साहित्य / ग्रंथ (गोंया भायल्या कोंकणी लेखकां खातीर) अशा साहित्य प्रकारांत पुरस्कार दितले.

पुरस्कार 2022, 2023 आनी 2024 अश्या तीन वर्सां खातीर भेटयतले आनी ताचो कालावधी दर वर्साच्या आदल्या तीन वर्सांचो आसतलो ते अशे: (I) 2022 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2019 ते 31 डिसेंबर 2021. (II) 2023 वर्सा खातीर 01जानेवारी 2020 ते 31 डिसेंबर 2022. (III) 2024 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2021 ते 31 डिसेंबर 2023.

ह्या दरेकी पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000/- आसा. तशेंच ह्या गटांत 'गोंया भायल्या कोंकणी लेखका खातीर' रू. 25,000/- चो साहित्य/ग्रंथ पुरस्काररूय अकादेमी दितली. ताचे नेम आनी अटी सर्वोत्कृश्ट साहित्य / ग्रंथ पुरस्काराक आसात तश्योच आसात, मात तो खंयच्याय एकाच साहित्य प्रकाराक दितले. ह्या गटांतूच 'साहित्य प्रतिभा पुरस्कार' आनी 'साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार' अशे दरेकी 50,000/- रूपयांचे दोन पुरस्कार साहित्य आनी संशोधनाच्या मळांचेर लक्षणीय वावर केल्ल्या 50 वर्सां वयल्या पिरायेच्या व्यक्तीक भेटयतले. हे जिवन गौरव पुरस्कार आसात.

कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार ह्या गटांत, अकादेमी शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ शानभाग पुरस्कार, युवा चैतन्य पुरस्कार, कोंकणी प्रसार माध्यमांत कला कौशल्य पुरस्कार, कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, कोंकणी कला सेवा पुरस्कार, कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार अशें पुरस्कार आसात. युवा चैतन्य पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000/- आसा. कोंकणी भाशेच्या मळार देखदिणो वावर केल्ल्यांक हो पुरस्कार दितले.

शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, हे पुरस्कार कोंकणी भाशेच्या विकासा खातीर साबार मळांनी मोलादीक योगदान दिल्ल्या 50 वर्सां परस चड पिरायेच्या कोंकणी कार्यकर्त्याक दितले. ताची रक्कम रू. 50,000/- आसा. हे जिवन गौरव पुरस्कार आसात. तशेंच कोंकणी भाशे खातीर मोलादीक कार्य केल्ले संस्थे खातीर रू. 50,000/- चो कोंकणी भाशा सेवा संस्था पुरस्कार अकादेमी दितली.

कोंकणी कला सेवा पुरस्कार आनी कोंकणी प्रसार माध्यमांत कला कौशल्य पुरस्कार हे दोन खाशेले पुरस्काररूय अकादेमी भेटयतली. हांतूतल्या कोंकणी प्रसार माध्यमांत कला कौशल्य पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000 /आसा. नेमाळीं, दिसाळें अशा छापील माध्यमांतल्यान कोंकणींतल्यान पत्रकारी स्वरुपाचे लिखाण करपी तशेंच इलेक्ट्रॉनीक पत्रकारिता प्रसार माध्यमांतल्यान आपणालें कला कसब दाखोवन कोंकणीची सेवा करपी व्यक्ती खातीर हो पुरस्कार आसा. हीं माध्यमां राज्य / केंद्रीय सरकारा कडेन नोंद / मान्यताय

मेळयिल्ली आसूंक जाय. कोंकणी कला सेवा पुरस्कार हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा. कोंकणी लोकनाट्य, लोकसंगीत, संगीत निर्देशन, सिने- नाट्य दिग्दर्शन, सिने - नाट्य अभिनय आदी कला क्षेत्रांत पिरायेचीं पन्नाशी हुंपिल्ल्या आनी भौशीक जिणेंत मोलादीक योगदान दिल्ल्या जेश्ट कलाकारा खातीर हो पुरस्कार आसा. ताची रक्कम रू. 50,000/- आसा. रोख रक्कमे भायर भोवमानपत्र, मानचिन्न, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्कारांचें स्वरूप आसतले.

ह्या तीन वर्सांच्या साबार पुरस्कारां खातीर पात्र व्यक्तींची शिफारस तशेंच अर्ज ता. 06 जानेवारी 2025 मेरेन अकादेमीच्या कार्यालयांत पावते करचे. दिल्ल्या मुजती उपरांत आयिल्ले अर्ज अकादेमी मानून घेवची ना, अशें कोंकणी अकादेमीन कळीत केला. अर्ज आनी नेमावळ पुस्तिका अकादेमीच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसात. इत्सुकांनी अकादेमीच्या, गोवा संचार भवन, 5 वो माळो, पाटो प्लाझा, पणजेच्या कार्यालयांत, कार्यालयीन वेळेंत येवन अर्जीपत्रां/शिफारस पत्रां व्हरूं येता. तशेंच 2022, 2023, 2024 ह्या तीन वर्सांच्या पुरस्कारां संदर्भांत खोलायेन म्हायती दिवपी नेमावळ पुस्तिका अकादेमींत उपलब्ध आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/719

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.